MODEL ANSWER KEY

SUB-RI KONKANI GRADE-9 Max Marks-80

1) C - म्हादय न्हंयच्या वाठाराची भोंवडी करची पडटली.
2) B - प्लॉटाखातीर पयशे उबे केले.
3) A - हावेस मानूंक जाय.
4) B - हें वाक्य विवेकान सुरेखाक म्हणलें.
5) B - हें वाक्य बरोवप्याच्या घरकान्नीन बरोवप्याक म्हणलें.
6) C - हें वाक्य मांत्रिकान इंगवलेक म्हणलें.
7) B - पुरण पोटराक येतकच तिका गोरवां आनी सावदां पसून राखची पडटा.
8) A - स्वामी विवेकानंद जो एकूच कल्पना घेवन तिका दसून रावता ताकाच जैताचो उजवाड मेळटा अशें म्हणटा.
9) A - सरभोंवतणचो सोबीत सैम हाचो रचणार तूंच.
10) C - कवी आपल्या देवाक भजता आनी ताचो वांगडी आपल्या देवाक भजता.
11) D – मोग
12) A - शेंडा
13) B – गरीब
14) C – इश्ट
15) A – थंड
16) C – गोड
17) B – रस्ते
18) B- सर्वनाम
19) D – अपुरबायेचो
20) C – रासनाम
21) सर्वसामान्यपणान थंडेचें दुयेंस जाल्ले भशेनच लक्षणां दाखयता.
22) विशाणू आंगांत रिगतकच ताची वाड जाता.
23) एक ते चार दीस.
24) सात दिसांभितर बरो जाता.
25) पुंगेच्या हालचालीक लागून तो हालता. ताका दिसता कोणतरी आपणाचेर हल्लो करूंक आयला.
26) परसो घालतात आनी रातची वात पेटोवन शितारेक वा खुंटाक हुमकळायतात.
27) सुरेखा रघूक आदाराक घेवन घराकुशीचे बागेंत कवाथो रोयतालें तें पळयलें.

28)प्लॉट विकतो घेतिल्ल्या मनशान प्लॉटाचे इश्कुरतूल आनी बंगल्याचो प्लांत दाखयलो तेन्ना बरोवप्याक शेळो घाम सुटलो.

29)विमानांतल्यान प्रवास करपी लोकांक ह्या रोगाची चत्राय मेळून सादूरताय बाळगुची म्हण.

(खंयचेय दोन) – 8 गूण

30)सुरेखान आपल्या बंगल्या भोंवतणी सगळेतरेचीं झाडां रोवन एक ल्हानशें फार्मूच तयार केल्लें. आंब्यासाकून  जगमीमेरेम आनी गुलाबासाकून आबोल्यांमेरेन सगळीं झाडां रोयिल्लीं. बागेंत तरेकवार भाजयोय रोयिल्ल्यो. मानायां बराबर वावुरतना तें झाडांची भुरग्यांसारकी जतनाय घेतालें आनी भुरग्यांकडेन उलयतात तशें अपुरबायेन उलयतालें.

31)खंयचीय गजाल पयलीं आयकून, समजून घेवन ताचेर चिंतन करप गरजेचें. ज्या गजालींनी चित्त थाऱ्यार उरना त्यो गजाली सोडून दिवपाक जाय. भायलें विश्व आनी भायल्या गजालींचें आकर्शण पुरायपणन पयस करुंक जाय जाल्यारच आमी एकाग्रता हाडूंक शकतले.

32)पोरण्या वाड्यांत पुरुन दवरिल्ल्या खजिन्याचें रक्षण करपाखातीर त्या जाग्या भोंवतणी नागसर्प भोंवता अशें लोक मानतात. मालुंडाक दोन तोंडां आसतात.  दुखापत करपी व्यक्तिचो सोद घेवन सोरोप ताका चाबता, सोरपाक कान आसतात अशें मानतात पूण खरेपणी कान आसनात.

33)पुट्टप्पाक प्लॉटार रावपाची मान्यताय दिवन बरोवप्यान सांगले की ताणें थंय कसलीच बुरशेपणां करपाक जायना. खोंपीक आनी कितेंच करूंक फावना. गार्फां, कवाथे कवकवीत  जावपाक जाय. फुलांची झाडां फुलिल्लीं आसूंक जाय.

(खंयचेय दोन) – 2 गूण

34)मांयभुंयेन साद घाला ताचो नाद भरला.

35)ते एकठांय खेळटाले, विस्वासान चलताले, एकाच देवाक नमताले.

36)आपणाल्या पोशांतच पावस पडचो.

(खंयचेय तीन) – 6 गूण

37)आमच्या भोंवतणच्या सैमांत आशिल्ल्या झाडापेडांनी, न्हंया- दर्यांनी, देवाची सासाय आसा. नांवां जरी वेगळीं आसलीं तरी देव ही एकूच शक्त आसा.

38)कवी तरणाट्यांक जागरूत रावन दुस्मानाची वायट सपनां गाडूंक सांगता. देशाची राखण करपाक सगळ्या धुवा पुतांक निश्चेव करुन उलो मारता.

39)पयलीं आमी आवयच्या गोपांत वाडटाले, एकाच बापायल्या विस्वासान चलताले ते आयज एकामेकांक वळखना, आतां ते वेगवेगळ्या देवाक भजतात.

40)हेरांल्या पोशांत घसघसून पावस पडटकच ताची पळयतल्याक नसाय जाता. मनशाक सगळे बरें तें आपणाकूच मेळिल्लें जाय आसता.

41)शेजाऱ्यान सांगिल्ली खबर आयकून दया <u>खिळून रावलो</u>.

42)न्हंयचेर गेल्लो पूत कडकडत येता तें पळोवन आवयच्या <u>हाता-पांयांक गुळे आयले</u>.

(खंयचीय चार) – 4 गूण

43)झाडावेल्यान उडी मारली म्हूण / आनी ताचो पांय म्होडलो.

44)मोठ्यान – क्रियाविशेशण अव्यय.

45)बुकलो दारार बसला.

46)राजेशाक सायकली चलोवंक आवडटात.

47)शिक्षकान समजायतकच/ समजावन जातकच ताणें चूक मागली.

(खंयचीय दोन) – 2 गूण

अव्ययांचो योग्य तरेन वापर करुन अचूक वाक्य बरयल्यार दर एका वाक्याक एक गूण दिवंचो.

48)अव्यय

49)अव्यय

50)अव्यय

51)पर्तगाळचो जिवोत्तम मठ म्हणल्यार भारतभरच्या भाविकांचे श्रध्दास्थान.

52)पैंगीण ही देवदेवतांची आनी परंपरागत उत्सवांची भूंय.

53)पैंगीणची गड्यांची जात्रा दर तीन वर्सांनी जाता.

54)गालजीबागची सांत आंतोनीची इगर्ज आनी सादोळशेंची रोजार सायबिणीची इगर्ज.

55)तळपणा गणपतीचें मंदीर आसा.

56)कोंकणी भाशेंत अचूक अणकार आसल्यार पुराय गूण दिवचे नाजाल्यार कमी दिवचे. (वट्ट 2 गूण)

इंग्लिश ही अशी एक भास जातूंत जायत्या हेर भासांतलीं उतरां आसात. पूण ती एक संवसारीक भास.

57)काणयेचें नांव (1)

काणयेचो विस्तार, भाशा शुध्दी, वाक्प्रचार, म्हणींचो वापर (3)

देख (1)

58)अर्ज करतल्याचो नामो – ( ½)

तारीख – (½)

कोणाक धाडटा ताचो नामो – (½)

विशय – (½)

मुखेल विशय, विस्तार, भाशाशुध्दी – ( 2 ½)

बरयतल्याची सय – (½)

वा

59)बरयतल्याचो नामो, तारीख – (1)

कोणाक बरयता तो नामो – (½)

विशय – (1)

मुखेल विशय, भाशाशुध्दी – (2)

बरयतल्याची सय – (½)

60)योग्य भाशा-शैली, शुध्दी, विरामचिन्हांचो वापर करून अचूक संवाद बरयल्यार पुराय गूण दिवंचे नाजाल्यार कमी गूण दिवंचे. (वट्ट 4 गूण)

61) निबंदाची सुरवात - 2

62) विशय मांडावळ - 3

63) (भाशा-शैली, विरामचिन्हां, वाक्प्रचारांचो आस्पाव आनी म्हणी)

64) भाशाशुध्दी – (1)

शेवट – (1)